**एएफसी चाम्पियन लिग मॅचींनिमतान फातोर्डा वाठारांतल्या रस्त्यांचेर येरादारीत बदल**

ता. 12 ऑगस्ट 2025

फातोर्डाच्या पं. जवाहरलाल नेहरू स्टेडिएमार फाल्या 13 ऑगस्ट दिसा एएफसी चाम्पियन लिगाच्यो दोन फुटबॉल मॅचीं जावपाच्यो आसून ह्या मॅचींनिमतान फातोर्डा वाठारांतल्या रस्त्यांचेर दनपारां 1.00 वरा सावन येरादारीत बदल करपात येतलो.

अंबाजी जंक्शन ते फातोर्डा जंक्शन मेरेनचो पाद्रे पेद्रो फेर्राव रस्तो सर्वसामान्य येरादारी खातीर बंद आसतलो. ह्या रस्त्यान फकत व्हीव्हीआयपी/व्हीआयपी पासधारक आनी थळाव्या निवासी पासधारकांक परवानगी आसतली.

फातोर्डा जंक्शना कडेन येवपी सगळें रस्तें व्हीआयपी गाडयो सोडून हेरांक बंद आसतले. कदंब बसस्टॅण्डा सावन पं. जवाहरलाल नेहरू स्टेडिएमा वटेन वचपाक वाहनांक परवानगी आसची ना.

तशेंच फातोर्डा स्टेडिएमा कडेन वचपी मुखेल रस्त्याचेर आनी अंबाजी जंक्शन ते फातोर्डा रस्त्याचेर वाहनां पार्क करपाक परवानगी आसची ना.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/685

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.